आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

## Pm

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि आसियान फुडाऱ्यांनी जोडपणान आसियान-भारत संबंधांमधल्या प्रगतीचो आढावो घेतलो आणि व्यापक धोरणात्मक भागीदारी मजबूत करपाच्या उपक्रमांर चर्चा केली. आपल्या उलोवपात, मोदीनी आसियान एकता, आसियान केंद्रीकरण आणि इंडो-पॅसिफिकावेल्या आसियान दृष्टिकोनाक भारताचो तेको आसपाचो पुनरुच्चार केलो आसियान कम्युनिटी व्हिजन २०४५ स्वीकारल्याबद्दल त्यांनी आसियानचे कौतुक केले. तांणीआसियान-भारत व्यापक धोरणात्मक भागीदारी (२०२६-२०३०) अंमलात हाडपाक आसियान-भारत कृती आराखड्याच्या अंमलबजावणी खातीर विस्तारित तेंको जाहीर के लो. सुरक्षित दर्या वातावरणाखातीर त्यांनी दुसरी आसियान-भारत संरक्षण मंत्र्यांची बसका आणि दुसरी आसियान-भारत दर्या सराव आयोजित करपाचोय प्रस्ताव मांडलो.

## Infantry

भारतीय सैन्य आज एकुण अश्यांवो इनफेंन्ट्री दिस मनयता. हो दिव .स स्वतंत्र भारतातल्या पयल्या लष्करी घटनेची याद म्हणून मनयतात, जेन्ना भारतीय सैन्यान २७ ऑक्टोबर १९४७ त काश्मीर देंगणात भारतीय भूयेर जाल्या पयल्या हल्ल्याक धांवडायले. राष्ट्राच्या सार्वभौमत्वाक आणि प्रादेशिक अखंडतेक निर्माण जाल्या धोक्या क प्रतिसाद म्हणून, भारतीय सैन्याचे मुखेल पंगड श्रीनगरात हवाई मार्गान देवले. पायदळाचे महासंचालक लेफ्टनंट जनरल अजय कुमार यांनी सगळ्या माजी सैनिक आणि सेवारत पायदळ सैनिकांक ह्या दिसाच्यो हार्दिक शुभेच्छा दिल्यो आगी त्यांच्या अटल धैर्य, व्यावसायिकता आणि कर्तव्याप्रती दृढ समर्पणाचे कौतुक केले.

## Shah

केंद्रीय गृहमंत्री आणि सहकार मंत्री अमित शहा यांनी आज मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीकचे उक्तावण केले. या वेळार उलयतांना शाह हाणी म्हणले की, भारताचो दर्या दृष्टिकोन सुरक्षितता, स्थिरता आणि आत्मनिर्भरतेर आधारित आसा.हालीच्या काळात केल्या व्यापक संरचनात्मक सुधारणानी भारत एक मजबूत दर्या शक्त म्हणून उदेता. या मेळाव्यात

उलयताना, केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हाणी म्हणले की, इंडिया मेरीटाईम वीक हो जगात लो सगळयात प्रमुख दर्या मेळाव्यांपैकी एक जाला, जातुन ८५ देश, ५०० हून अधिक प्रदर्शक आणि ४० व्यासपीठांचो सहभाग आसा

Rajnath

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी आज देशाच्या संरक्षण उत्पादनात खाजगी क्षेत्राच्या वाढत्या सहभागार उजवाड घालो  आणि सांगले की भारताची संरक्षण निर्यात आता विक्रमी २३ हजार ५०० कोटी रुपयां मेरेन पावल्या. नवी दिल्लीत जाल्या SIDM वार्षिक परिषदेत उलयताना, मंत्र्यांनी अधोरेखित केले की फाल्या दसकात देशाचे देशांतर्गत संरक्षण उत्पादन १.५ लाख कोटी रुपयांपरस चड  विक्रमी उत्पादन जाला आणि खाजगी क्षेत्राकडच्यान ३३ हजार कोटी रुपयांपरस चड  रक्कम मेळटा.ऑपरेशन सिंदूरच्या यशाचे कौतुक करताना, मंत्र्यांनी उद्योग झुजाऱ्यांची नावीन्य .पूर्णता, डिझाइन आणि उत्पादन या क्षेत्रात अथक परिश्रम केल्याबद्दल कौतुक केले. सिंह यांनी लष्कर, नौदल आणि हवाई दलासयत खुपशा धोरणात्मक समजीकायेच्या कबलाती वरवी उद्योग आणि सशस्त्र दलांमदी महत्त्वपूर्ण सहकार्य स्थापित केल्याबद्दल SIDM चे कौतुक केले.

Imd

भारतीय हवामान विभागान आज आंध्र प्रदेशच्या भाग, पूर्व राजस्थान, गुजरात, केरळ, माहे, कोकण, गोवा, ओडिशा, रायलसीमा, तामिळनाडू पुडुचेरी, कराईकल आणि कर्नाटकच्या दर्या भागात घोग्यांनी ते अति घोग्याच्या पावसाचो अंदाज दिला

Sports

काल bahrainaat जाल्ल्या आशियाई युवक खेळांत भारतीय लिफ्टर प्रीतीस्मिता भोईन, नवीन  युव वर्ल्ड विक्रम स्थापन केलो. चलीयांच्या चववेचाळीस किलो स्पर्धेंत वांटो घेवन तिणें क्लीन अँड जर्कांत ब्याणव  किलो वजन येसस्वीपणान उखललें.